Rajnath 45

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आनी तांचे मालदीवजचे समपदस्त मोहम्मद घसन मौमून हांचे मदीं आयज नवी दिल्लींत द्विपक्षीय बसका जाली. ह्या बसकेत दोनूय मंत्र्यांनी प्रशिक्षण,संरक्षण प्रकल्प अशा द्विपक्षीय संरक्षण सहकार्याच्या वेगवेगळ्या मुद्यांचेर चर्चा केली आनी  नियाळ घेतलो. मालदीवचे संरक्षण मंत्री तीन दिसांचे भारत भोंवडेर आसात.

नितीन गडकरी - अपघात - 100

केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी 2024 वर्सा रस्त्याच्या अपघातांक लागून सुमार 1.80 लाख लोकांक मरण आयलां अशें सांगलां. काल नवी दिल्लींत सगळ्या राज्यांच्या आनी केंद्रीय प्रदेशांच्या येरादारी मंत्र्यां कडेन रस्त्या सुरक्षे विशीं पत्रकार परिशदेंत उलोवप करतना केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी ही म्हायती दिली. सुमार ३० हजार लोकांक हेल्मेट घालूंक नाशिल्ल्यान मरण आयलें अशे ताणी सांगले. मरण आयलल्या मदी 66 टक्के लोकांची पिराय 18 ते 34 वर्सां मंदी आशीलली अशें तांणी सांगले .शाळा आनी म्हाविद्यालयां मुखार आशिल्ल्या भायर सरपाच्या प्रवेशसुवातेर योग्य वेवस्था नाशिल्ल्यान सुमार 10 हजार भुरग्यांक मरण आयलां अशेंय केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी सांगलें.

Paswan  120

भौगोलिक आनी लोकसंख्येच्या विविधतायेक लागून भारतांकडे आपले खाद्यपदार्थ जागतीक पावंड्यार पावोवपाची तांक आसा अशें केंद्रीय अन्न प्रक्रिया उद्देग मंत्री चिराग पासवान हांणी सांगलां. ग्रेटर नोयडा हांगा आयज सिंधू अन्न 2025 च्या उक्तावण वेळार ते उलयताले तांणी सामान्य लोकांखातीर अन्न सुरक्षेचेर भर दिलो आनी शेफांक आनी अधिकाऱ्यांक जेवणाचो आणि अन्नधान्याचो दर्जो सुनिश्चीत करपाक सांगलें. देशभरांत 100 नवे अन्न चांचणी लॅब स्थापन करतात आनी नाशवंत खाद्य पदार्थांचें टिकाऊपण वाडोवपा खातीर किरणोत्सर्ग म्हळ्यार (इर्रॅडिटेशन) सुरू करतात असोय उल्लेख पासवान हांणी केलो. केंद्राची धोरणा आणि खासगी उद्देगांक जोडपाक सरकार कटिबद्ध आसा अशेंय ते उलयलें. इंडस फूड हो आशियातलो प्रमुख खाद्य आणि पेय व्यापार शो आसा.  एक हजार 800 वयर प्रदर्शक आणि

180 परस चड आंतरराष्ट्रीय प्रदर्शक ह्या शोंत वांटो घेतात आनी सुमार 20 देशांतले मंडप ह्या कार्यावळींत स्थापन केल्यात.

NCC 90

हवाई दळाचे मुखेली अमर प्रीत सिंग आयज नवी दिल्लींत जाल्ल्या नॅशनल कॅडेट कॉर्पस प्रजासत्ताक दीस शिबिर 2025 त हाजीर आशिल्ले . ह्या वेळार उलयतना सिंग हांणी सांगलें की एनसीसी राष्ट्राक एकठांय हाडपाचें तोखणायेचें काम करता. राष्ट्र उभारपाखातीर NCC हे तारणाट्या मनांचे केंद्र अशे सांगून त्यांनी खोस उक्तायली. तशेंच सिंग हांणी तरणाट्यांक एनसीसींत सामील जावपाक आनी देशाची उदरगत करपाक प्रोत्साहन दिलें. एनसीसी निस्वार्थ सेवा, फुडारपण, देशभक्ती, आनी शिस्त हांची कुशळटाय दिवपाक मदत करता अशें हवाई दळाचे मुखेल्यान सांगलें. भारतीय वायुसेना एनसीसीक प्रशिक्षण आनी हेर कार्यावळीं वरवीं शक्य तितली मजत दितली अशेंय तांणी स्पश्ट केलें.

DESK 65

प्रसार भारती खबरा विभागा वतीन आकाशवाणी पणजी केंद्राचेर पूर्ण वेळ कंत्राटी पद्धतीचेर काम करपाक कार्यकारी संपादक म्हण एक तशेच अनुवादक-खबरावाचक म्हण एक अशा दोन सुवातींचेर दोन वर्सा खाती खातीर काम करपाक अर्ज मागयता. ही सेवा शुध्द कंत्राटी तत्वाचेर आसतली आणि म्हयन्याक विना अट ४० ते ५० हजार एकत्र पगार आसतलो. हेर म्हाईती खातीर , अटी आनी तपशिलाखतीर प्रसारभारतीच्या संकेतथळावेल्या रिक्त पदांची घोशणा विभाग पळोवचो.

IMD 130

पुराय उत्तर भारतांत थंड हवेची ल्हारा पातळील्लि आसात अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला. पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, राजस्थान आनी उत्तर मध्य प्रदेशांत आयज थंड हवेची ल्हारा आसपाची परिस्थिती आसा तशीच उरतली अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला. फुडल्या 3-4 दिसांत, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तर प्रदेश, बिहार आनी झारखंडांतल्या कांय वाठारांनी सकाळीं आनी रातच्या वेळार दाट धुके पातळावपाची शक्यताय आसा असो अदमास भारतीय हवामान खात्यान उक्तायला. आयज अरुणाचल प्रदेश, नागालँड, मणिपूर, मिझोराम आनी त्रिपुरात जोगला सयत गडगड मारपाची

शक्यताय आसा अशे भारतीय हवामान खात्यान सांगला .फुडल्या 2 दिसांत अस्तंत उत्तर, मध्य  आनी उदेंत भारतातले तापमान  2-4 डिग्री सेल्सियस देवतले असो अदमास हवामान खात्यान उक्तायला. इतले मजगती दाट धुकें आशिल्ल्यान देशाच्या उत्तर वाठारांत जायत्या रेल्वेच्या येरादारीचेर परिणाम जालो.